१२-०३-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

मुख्यमंत्री 105

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल longituudinal cohort study On NCD'sचे अनावरण केले. ह्या उपक्रमावरवी गोडे मुताचे दुयेस,केन्सर,काळजाची दुयेसा तशेच कीडणीच्या दुयेसाचेर उपचार दीवपाखातीर खासा अभ्यास जातलो. सुरवेक गोंयच्या 1 लाख नागरीकांची ह्या अभ्यासावरवी तपासणी आनी उपचार सुरू जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

Oxford university तशेच Tata memorial hospital च्या जोडपालवान हे संशोधन जातले. संबंधीत दुयेसा, ती जावपाची कारणा,तशेंच गोंयचे पर्यावरण,खाणा जेवणाची तशेंच जीणेची पद्द्त तशेच वंशीकतायेचो नियाळ घेवन ही दुयेसा जावपाची कारणा आनी ते प्रमाण उपचार दीवपाचे काम ह्या उपक्रमावरवी जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

पर्वरे मंत्रालयात जाल्ल्या ह्या कार्यावळीक मुखेल सचीव वी केन्डावेलु, गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाचे डीन दोतोर शिवानंन्द बांदेकार,tata memorial hospital चे प्रतीनीधी हाजीर आशील्ले.

विश्वजित राणे- 90

गोंयभरांतल्या वेगवेगळ्या भलायकी केंद्रांनी प्रयोगशाळा सुदारपा विशीं चर्चा करपा खातीर Abbott company च्या अधिकाऱ्यां कडेन काल भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी बसका घेतली. लोकांक गरजेच्यो भलायकी उपचार चांचण्यो वेळात करून मेळच्यो हे खातीर निदान क्षमता वाडोवप, उपचाराखातीर

प्रवास उणो करप आनी भलायकी सेवात सुदारणा करप हाचेर भर दिवच्या हेतान ही यंत्रणा भलायकी खाते सक्षम करता अशे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला.

भलायकी मळावेल्या मुळाव्या साधनसुविधांचें मुल्यांकन करपा खातीर आनी सुदारणा करपाचे नदरेतल्यान Abbott company भलायकी मळावेल्यि सरकारी यंत्रणांचे सर्वेक्षण बेगीनुच करतले अशी म्हायती मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.

शिवानंन्द बांदेकार - ९०

अत्याधुनीक इम्युनोहेमॅटोलॉजी आनी रगत संक्रमण सेवां खातीर समर्पीत आशिल्ली नवी इमारत बांदपा खातीर जीएमसी आनी हॉस्पिटल सर्विसेस कन्सल्टन्सी कॉर्पोरेशन (एचएससीसी) लिमिटेड हांचे मदीं काल कबलात जाल्या. गोय वैजकीय म्हाविद्यालय हा ॅस्पीटलाच्या सुपरस्पेशॅलिटी ब्लॉकाक तशेच tertiary cancer center ही यंत्रणा लागतली. ते फांटभुयेर ही सुविधा उपलब्ध जावपाक ही कबलात केला अशी म्हायती जीएमसीचे डीन दोतोर शिवानंन्द बांदेकार हांणी दील्या.

हया नव्या केंद्रांत transfusion medicine चो वैजकींत पदव्युत्तर अभ्यासक्रम सुरू करतले अशी म्हायती तिंणी दील्या. देश भरांतल्या फकत कांय वेचीक वैजकी म्हाविद्यालयांनी हो अभ्यासक्रम सुरू आसा अशी म्हायती डीन दोतोर शिवानंन्द बिंदेकार हांणी हयावेळार दील्या.

शिगमोत्सव - ११०

पणजे शिगमोत्सवाची सुरूवात 14 मार्चाक आझाद मैदानावेल्यान गुलालउत्सवात जातली.ते उपरांत 22 मार्चाक शिमग्याची चित्ररथाची मिरवणुक जातली अशी

म्हायती पणजी शिगमोत्सव समितीचे अध्यक्ष आनी नामनेचू उद्देजक श्रीनिवास धेंपो हांणी पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत दील्या.

हे शिवाय शिमग्याच्या काळान पाच दीस सांस्कृतीक कार्यावळीचे आयोजन केला. पणजे शारात स्मार्ट सिटीचे काम सुरू आशिल्ल्या कारणान अंदु शिगम्याची चित्ररथांची परेड दयानंद बांदोडकर रस्त्यावेल्यान सुरू जातली अशी म्हायती श्रीनिवास धेंपो हांणी दील्या.

दर वर्सा पणजी शिमगोत्सव समिती 3 कलाकारिंचो सत्कार करता.अंदु मुर्तीकार संतोश गांवकार,नाट्यकलाकार दामोदर नायक, आनी तियित्रिस्त आवेतो फर्नांडीस हांचो सत्कार समिती करतली अशे धेंपो हांणी सांगले.
गोंयची गिरेस्त कला आनी संस्कृतायेचे दर्शन शिमग्यातल्यान जाता.फाटल्या 37 वर्सा सांवन पणजी शिमगोत्सव समिती पणजेत शिमग्याची कार्यावळ आयोजित करता अशे तांणी सांगले.